# **राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं**

ता. 30 ऑगस्ट 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "गणेश चतुर्थीच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना दिता.

श्रीगणेश हे पुज्य दैवत आसा आनी सगळें मनोभावे ताची पुजा करतात. श्रीगणेश हे प्रत्येक मनशाखातीर दैवत आसा, हे लोकमान्य टिळकाक दिसले. त्या खातीर गणेश चतुर्थीचो उत्सव एक लोकप्रिय उत्सव आसा. लोकमान्य टिळकान हो उत्सव एकतेचे राष्ट्रीय प्रतिक केले. ह्या उत्सवाच्या काळात गोंयासयत अनेक राज्यांच्या प्रत्येक कोनशा कोनशांनी सार्वजनीक गणेश मुर्तीचे पुजन केल्ले आमकां पळोवक मेळटा. सार्वजनीक गणेश उत्सवाच्या थळार सगळयां समाजाचे लोक एकटाय येतात.

ह्या उत्सवाच्या निमतान सगळें कुटुंब एकत्र येता. गणेश चतुर्थीचो सण व्हडा उमेदीन आनी भक्तिभावान मनोवपा खातीर कुटुंबातले सगळें वांगडी आपल्या मूळ घरा येतात. चवथीच्या सणाक श्रीगणेशाक आवडपी वेगवेगळया तरेचे गोडधोड जीन्नस तयार करतात आनी गणपतीचे मखर सजोवपाक सैमीक वनस्पती आनी फुलां-फळांचो वापर करतात. स्नेहभाव, समाजीक सलोखो आनी परस्पर समजीकाय मजबूत करपी ह्या वैशिश्ट्यपुर्ण सणाचो भाग जावपाक प्रत्येकांक चड उमेद जाता. हो सण गोंयची एकजूट आनी धार्मिक सलोखो मजबूत करता.

ह्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांचेर श्रीगणेशाची कृपाआशिर्वाद आसू आनी प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, खुशालकाय आनी भरभराटी येव, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/500

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji